मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मोपा हांगच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळार स्थापन केल्ल्या रेसिंग सर्किटाक भेट दिवन 14 आनी 15 फेब्रुवारीक आयोजीत केल्लया एफ 4 इंडियन चॅम्पियनशिपा खातीर चालील्ला तयारेचो प्रत्यक्ष भेट दींवन नियाळ घेतलो.

एक राज्य म्हण, आम्ही टेलिमानस, जिल्लो मानसिक आरोग्य कार्यावळ आणि मानसोपचार आणि मानवी वर्तन संस्था हांच्यातल्या अखंड समन्वयाच्या आधारार, प्रत्येक प्राथमिक आरोग्य केंद्रात IMPRESS कार्यावळीवरवी एक निर्णायक पावल उबरला अशे भलायकी मंत्री विश्वजित राणे हाणी सांगले.

कोंकणी भाशा मंडळान राजभासा संचालनालय आनी गोंय एस.सी.ई.आर.टी. हांच्या जोडपालवान १६ आणि १७ फेब्रुवारीक कोंकणी बाल साहित्य परिशदचें आयोजन केलां.

राष्ट्रीय एकत्रीत ऑन्कोलॉजी परिशद 12-13 फेब्रुवारी 2026 दिसा एक्ट्रेक-टाटा मेमोरियल सेंटर, नवी मुंबय हांगा आयोजीत केल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मुंबय टाटा केन्सर रीसर्च हा ॅस्पीटलात आयोजीत केल्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार दीला.

कोंकणी भाशा मंडळान राजभासा संचालनालय आनी गोंय एस.सी.ई.आर.टी. हांच्या जोडपालवान कोंकणी बाल साहित्य परिशदचें आयोजन केलां. १६ आणि १७ फेब्रुवारी अशे दोन दीस ही परिषद जातली.

आयज मडगाव हांगा जाल्ले पत्रकार परिषदेत कोकणी भाषा मंडळाच्यो अध्यक्षा रत्नमाला दिवकर हाणी ही माहिती दिली. ह्यावेळार मंडळाचे सरचिटणीस मंगलदास भट, संयोजक चेतन आचार्य आनी लियोनार्ड फर्नांडीस हाजीर आशील्ले. 16 फेब्रुवारीक सकाळीं 10.00 वरांचेर नामनेचे हिंदी लेखक प्रियवंद ह्या परिशदेचें उक्तावण करतले.

उक्तावण कार्यावळी उपरांत दनपारां 12 ते दनपारां 1:30 मेरेन परिशदेचें पयलें सत्र "बाल साहित्यांतले समकालीन विशय" ह्या विशयाचेर आसतलें. हाजीर आशिल्ल्यांक सुशील शुक्ल आनी सोनिका कौशिक मार्गदर्शन करतले. परिशदेच्या पयल्या दिसा

जेवणा उपरांत सुमार दनपारां 3 ते 5 वरामेरेन सुशील शुक्ल, सोनिका कौशिक, दिनेश मणेरकार, जुझे लोरेन्झो, नयना आडारकार आनी हर्षा शेट्ये हांच्या साहित्याचे सादरीकरण जातले.

17 फेब्रुवारीक सकाळीं 9:30 ते 11:30 मेरेन "शिक्षणांत बाल साहित्याची भुमिका" ह्या विशयाचेर डॉ. सुनीता मिश्रा, डॉ. नारायण देसाय आनी आरती मुथन्ना आपले विचार मांडटले. निमाणे सत्रात सुमार दनपारां 11:30 ते दनपारां 1:00 मेरेन "बाल साहित्यांत चित्रकला प्रक्रिया आनी म्हत्व" ह्या विशयाचेर चित्रकार चंद्रमोहन कुलकर्णी आनी इंद्रप्रोमित रॉय मार्गदर्शन करतले.

हे परिशदेंत  शिक्षक आनी साहित्य वांगडी हाजीर आसतले. लेखक, शिक्षक आनी बाल साहित्यांत रूची आशिल्ल्यांक एकठांय हाडून शिक्षणांत बाल साहित्याचे म्हत्व जाणून घेवप हो ह्या कार्यावळीचो हेत आसा अशी माहिती अध्यक्षा रत्नमाला दिवकर हाणी दिली.

गोंय विधानमंडळ सचिवालयान गोंय विधिमंडळ मंचाच्या समन्वयान 13 ते 21 फेब्रुवारी 2026 मेरेन  PAC/PUC हॉल, विधानसभा संकुल, पर्वरी हांगा 2025-26 च्या विद्यार्थी संसद सर्तीचे आयोजन केला.

विद्यार्थी वर्गामदी स्वयंशिस्त रूजोवप, अभिव्यक्ती अधिकार, हेरांच्या मतांबद्दल सहिष्णुताय, विद्यार्थी वर्गामदी वादविवाद सुदारप आनी लोकशाय जीणेच्या बऱ्या चलणुकांची जाणीव करून दिवपाच्या हेतान  ह्या सर्तीचे आयोजन केला.  ह्या सर्तीत राज्यांतली 219 महाविद्यालयां वाटो घेतली. 13 फेब्रुवारी 2026 ह्या दिसा सकाळी 10.30 वराचेर गोंय विधानसभेचे सभापती डॉ. गणेश गावकार हांचे हाजरीत सर्तीचें उक्तावण जातले.

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मोपा हांगच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळार स्थापन केल्ल्या रेसिंग सर्किटाक भेट दिवन 14 आनी 15 फेब्रुवारीक आयोजीत केल्लया एफ 4 इंडियन चॅम्पियनशिपा खातीर चालील्ला तयारेचो प्रत्यक्ष भेट दींवन नियाळ घेतलो.

ह्या वेळार मुखेलमंत्री सावंत हाणी वरिश्ठ सरकारी अधिकारी आनी रेसिंग प्रमोशन्स प्रायव्हेट लिमिटेड कार्यावळीचे आयोजक तशेंच कंपनीचे प्रतिनिधी वांगडा

कार्यकारी वेवस्थेचो नियाळ घेतलो. 14 आनी 15 फेब्रुवारी 2026 दिसा जावपी दोन दिसांच्या मोटारस्पोर्ट सर्तीच्या मुखार जाल्ले तयारीचेर तांणी समाधान उक्तायलें.

आंतरराश्ट्रीय मोटार खेळां खातीर गोंयाक येजमानकी दिवप हें एक व्हड पावल. ह्या कार्यावळींतल्यान पर्यटनाक आणि खेळां संस्कृतायेक चालना मेळटली, राज्यांत रोजगाराची संद निर्माण जातली अशी अपेक्षा मुखेलमंत्र्यानी उकतायल्या.

दक्षिण गोंय जिल्लो प्रशासनान रस्त्यार माल विकपी आनी भीक मागपी लहान भुरगीं सोदून काडपा खातीर आनी तांचे पुनर्वसन करपा खातीर एक व्यापक मोहीम सुरू करपाचो निर्णय घेतला. हे विशीं चर्चा करपा खातीर अतिरिक्त जिल्होधिकारी रमेश गांवकार हांच्या अध्यक्षते खाला मडगाव हांगा बसका जाली.

हे बसकेंत ह्या मोहिमेचे उपाध्यक्ष अवदा विएगस आनी दक्षिण गोंयचे पुलीस अधीक्षक संतोष देसाय हे हाजीर आशिल्ले. हे बसकेंत अशा रस्त्यार माल विकपी भुरगीं सोदपा खातीर वेळोवेळ धाड घालपा खातीर पंगड धाडपाचो निर्णय घेतिल्ल्याची म्हायती मेळ्ळया.

चिन्मय मिशन संस्थेच्या 75व्या वर्साच्या उत्सवा निमतान अमृत महोत्सवी वर्साचे वेगवेगळे कार्यावळी आखल्यात. हांतुत देश पांवडयार चिन्मय अमृत वाहिनी ही बस भोवंडी भारतभर 295 दिसांनी 35000 किमी प्रवास करतली. हांतूत 10 लाख तरणाट्यांक प्रेरीत करप आनी तांकां जोडप हो हेत आसा. ही यात्रा 15 फेब्रुवारी 2026 दिसा फोंडा तालुक्यात पावतली. ह्या कार्यावळीत तरनाटयांनी वांटेकार जावंचे अशे आवाहन चिन्मय मिशन संस्थेच्या जाळवणदारांनी केलां.

याच दिसा बाळ मेळाव्याचे आयोजन केलां. तशेच क्रांती मैदानांचेर सांजवेळा 5.30 ते 8.00 मेरेन भौशीक आध्यात्मिक कार्यावळ जातली.

मडगावांतली कार्निवाल मिरवणूक आयतारा 15 फेब्रुवारीक जातली. मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकर हाणी ही माहिती दिली.

मडगावन होली स्पिरिट इगर्जे सावन ही मिरवणुकी सुरू जातली आणि पालिका चौक मेरेन ती चालू उतरली. ह्या उत्सवाची सगली तयारी पुराय जाल्या अशी म्हायती आयज आयतारा पत्रकार परिशदेंत नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार हाणी दिली. मिरवणूक सांजवेळा 4 वरांचेर सुरू जावन 10 वरां मेरेन सोंपची हे खातीर आमी सगळ्यो जतनाय घेतल्यात, आनी मिरवणुकेंत वांटो घेवपी लोकांकय हे विशीं म्हायती दिल्या.

हे पत्रकार परिशदेंत उपनगराध्यक्ष बबिता नायक, मार्गाव कार्निवाल समितीचे प्रभारी अध्यक्ष मिलाग्रीन गोम्स, मुखेल अधिकारी मधु नार्वेकार आनी हेर नगरसेवक हाजीर आशिल्ले. मिरवणुकीची रुपरेखा दितना शिरोडकर  हाणी मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत, पर्यटन मंत्री रोहन खवांटे, भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत, भाजपा गोंय राज्य अध्यक्ष दामोदर नायक, पर्यटन खातेंचे संचालक केदार नायक, आमदार विजय सरदेसाय, उल्हास तुयेकर आनी ॲलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स हाजीर आसतले अशीय म्हायती दिली. तशेंच मिरवणुकेच्या सुवातेर एम्ब्युलन्स, उजो पालोवपी दळ तैनात करतलेअशें तांणी सांगलें.

मजगतीं दक्षिण गोंयचे पुलीस अधीक्षक संतोष देसाय हांणी मिरवणुकेंत वट्ट 200 पुलीस तैनात करतले अशी म्हायती दिली. दनपारां उपरांत मिरवणूक मार्ग येरादारी खातीर बंद करतले आनी येरादारी दुसऱ्या मार्गाचेर वळयतले. कार्निवालाच्या वेळार वेगवेगळ्या सुवातेर खेळां कार्यावळीय आयोजीत करतात आनी थंयय पुलिसांची वेवस्था जातली अशें तांणी सांगलें.

दाबोळो  विमानतळ नौदळ ताब्यात घेवचो ना वा विमानतळ बंद जावचो ना, हाची माका खात्री आसा, अशें येरादारी मंत्री मॉविन गुदिन्हो हांणी स्पश्ट केलां.विरोधी पक्षांनी हुस्को उक्तायल्या उपरांत तांणी हे स्पश्टीकरण केले. दाबोळी विमानतळ बंद जातलो, अशी चर्चा राज्यात सुरू जाल्या. दाबोळी विमानतळ नौदळान ताब्यात घेवचो म्हूण जीएमआर कंपनी चेपाण हाडटा. ही गजाल कळ्या उपरांत गोंयांत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे सयत हांवे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांची भेट घेवन चर्चा केली. हाचे उपरांत दिल्लीत खासदार सदानंद शेट तानावडे हांचे सयत संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांची भेट घेवन हांवे निवेदन भेटयले. दाबोळी विमानतळ नौदळ ताब्यात घेवचो ना. ताचेर विमान येरादारी सुरूच उरतली, अशें आश्वासन संरक्षण मंत्र्यांनी दिल्याचे गुदिन्हो हांणी सांगलें.

एक राज्य म्हण, आम्ही टेलिमानस, जिल्लो मानसिक आरोग्य कार्यावळ  आणि मानसोपचार आणि मानवी वर्तन संस्था हांच्यातल्या अखंड समन्वयाच्या आधारार, प्रत्येक प्राथमिक आरोग्य केंद्रात IMPRESS कार्यावळीवरवी एक निर्णायक पावल उबरला अशे भलायकी मंत्री विश्वजित राणे हाणी सांगले.

गोवा क्रिकेट असोसिएशनाचे सांगे-केपे-सावर्दे विभागीय 14 वर्सां सकयल्या चल्यांच्या अध्यक्षिय करंडक क्रिकेट सर्तींत न्यू एज्युकेशनल इन्स्टिट्यूटांन जैत मेळयलें. निमण्या सामन्यात तांणी रिवणच्या उत्कर्ष हायस्कुलाक आठ विकेटींनी हारयले. ही मॅच मलकर्णेच्या एसके मैदानाचेर जाल्ली.

राष्ट्रीय एकत्रीत ऑन्कोलॉजी परिशद 12-13 फेब्रुवारी 2026 दिसा एक्ट्रेक-टाटा मेमोरियल सेंटर, नवी मुंबय हांगा आयोजीत केल्या. आयुश मंत्रालयाच्या आदारान आनी सीसीआरएएसच्या सहकार्यान ही परिशद घडोवन हाडटात. कॅन्सराचेर उपचार करपाक आधुनीक वैजकी आनी आयुश पद्दतीचें पुराव्याचेर आदारिल्लें एकीकरण वाडोवप हो परिशदेचो मुखेल हेत आसा अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मुंबय टाटा केन्सर रीसर्च हाॅस्पीटलात आयोजीत केल्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार दीला.

तीन दीसाच्या ह्या परिशदेंत दोतोर, संशोधक आनी धोरण निर्माते एकठांय येवन एकत्रीत कॅन्सर उपचाराची चौकटी, क्लिनीकल संशोधन आनी भलायकी धोरणां हांचेर चर्चा करतले अशी म्हायती तांणी दील्या.

गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें, शास्त्रीय पुराव्याचेर आदारिल्ल्या आयुश पद्दतींक मुखेल प्रवाहांत हाडपाक केंद्र सरकार कटिबद्ध आसा. पारंपारीक गिन्यान आनी आधुनीक विज्ञान हांचें एकीकरण उपचार सोंसपाची तांक वाडोवपाक आनी दुयेंतीच्या जिणेचो दर्जो सुदारपाक उपेगी पडूं येता अशें टाटा मेमोरियल सेंटराचे आदले संचालक डॉ.राजेंद्र बडवै हांणी म्हणला.

केंद्रीय ट्रेड युनियनांनी दिल्ल्या राश्ट्रव्यापी संपाक तेंको दिवन केंद्र आनी वेगेवगेळ्या राज्यांतल्या सरकारांच्या कामगार विरोधी आनी शेतकार विरोधी धोरणांक खर विरोध आयज ऑल इंडीया ट्रेड युनीयन कॉग्रएस संघनेच्या बॅनरासकयल गोंयच्या 12 संघटनांनी पणजे धरणे आंदोलन केले. ह्यावेळार पणजी कदंबा बस स्टेण्ड ते पणजी आझाद मैदानामेरेन ह्या संपाटत वाटो घेतिल्ला संघटनांनी संबंधित धोरणाचो विरोध करीत रॅली काडली. हांतुन निम सरकारी विभाग, स्वायत्त संस्था, उद्देगीक आस्थापन, कारखाने, शिपयार्ड, येरादारी, आंगनवाडी, बँको, एलआयसी आनी जनरल इन्शुरन्सांत काम करपी कामगारांनी वाटो घेतिल्लो.

मजूर विरोधी संहिता फाटीं घेवप आनी रद्द करप:, मनरेगा कायदो परतून हाडून नवो व्हीबी-जी रॅम जी कायदो रद्द करचो, अकुशळ वर्गा खातीर दर म्हयन्याक उण्यांत उणें पगार 26,000; रु. सेमी स्कील्ड 28,600/- रुपया, जाल्यार . कुशळ कामगारांक 31,500/- रुपया.समान कामाक समान पगार हें तत्व चालीक लावप, कायम नोकऱ्यांचें खाजगीकरण आनी आउटसोर्सिंग बंद करप, कंत्राटी कामगारांक सेवेत कायम करप, सगळ्यो शेतकार विरोधी धोरणां फाटीं घेवप, जमीन, उदरनिर्वाह, आनी अन्न सुरक्षा हांची राखण करप,सातवो पगार आयोगाच्या शिपारसीप्रमाण पंचायत कामगारांच्य वेतनात वाढ करप, तशेचं हेर मागम्याचो आसपाव आसा.

ह्यावेळार आयटकचे सरचिटणीस कॉम. क्रिस्टोफर फोन्सेका, एआयटीयूसीचे राज्य सरचिटणीस, कॉम. प्रसन्न उतागी, अध्यक्ष, कॉम. आर.डी.मंग्वेश्कर आनी कॉम. सुहास नायक, डाय. सरचिटणीसाचें. आंगनवाडी कामगारांची फुडारी सुश्री सुनीता मुरगांवकार हांणी आंगनवाडी कामगारांनी व्हड वांटो घेतिल्ले .. तशेंच ह्या रॅलीक इंडियन नॅशनल कॉंग्रेस पक्षावतीन गोंय कॉग्रेस प्रदेशाध्यक्ष अमित पाटकार हांमी ह्या संपाक तेको दिला.